Panaji National 28th January 2026 8.40am

- संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयच्यान सुरू जाता.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत करिअप्पा परेड ग्राउंडचेर वर्सुकी एनसीसी पीएम रॅलीत उलोवप करतले.
- भारत आनी युरोपीय संघान काल इतिहासीक मुक्त वेपार कबलातीचेर (एफटीए) सयो केल्यो.
- आशियांतली सगळ्यांत व्हडली नागरी विमानन कार्यावळ विंग्स इंडिया 2026 आयज हैदराबादात सुरू जाता.
- दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या क्रिकेट विश्वचषकांत काल  जाल्ले सुपर स स्टेज मॅचींत भारतान झिंबाब्वेक 204 धांवड्यांनी हारयलो.

Parliament – 65

संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयच्यान सुरू जातलें आनी तें 2 एप्रील मेरेन चलतलें. या अधिवेशनाची सुरुवात आज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या लोकसभा आणि राज्यसभा ह्या दोनूय सभागृहांच्या वागड्यांक उद्देशून केलेल्या अभिभाषणान जातली. अर्थीक सर्वेक्षण बिरेस्तारा मांडटले आनी अर्थसंकल्प आयतारा 1 फेब्रुवारीक सादर करतले. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो पांवडो आयच्यान 13 फेब्रुवारी मेरेन चलतलो जाल्यार दुसरो पांवडो 9 मार्च ते 2 एप्रील मेरेन जातलो. अधिवेशनांत 30 बसका जातल्यो.

All Party meet - 105

सरकारान काल सगल्या पक्षांची बसका आपयली आनी संसदेच्या दोनूय सभाघरांचें कामकाज सुरळीत जावचे हे खातीर सहकार्याचें आवाहन केलें. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांच्या येजमानके खाला हि बसका जाली. राज्यसभेंतले सभाघराचे फुडारी जेपी नड्डा, संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू, संसदीय वेव्हार राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल आनी डॉ एल मुरुगान हांणी हे बसकेंत वांटो घेतलो. काँग्रेस फुडारी जयराम रमेश, डीएमके फुडारी तिरुची शिवा, टीएमसीचो फुडारी सागरिका घोस

आनी समाजवादी पक्षाचे खासदार रामगोपाल यादव हांच्या संयत हेर फुडारी ह्या बसकेक हाजीर आशिल्ले.
बसके उपरांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना संसदीय वेव्हार मंत्र्यांनी सांगलें, अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या पयल्या पावंड्यात राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणाचेर उपकार प्रस्ताव मांडतले, उपरांत अर्थसंकल्पा विशीं दोनूय सभाघरांनी चर्चा जातली.

PM NCC – 70
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत करिअप्पा परेड ग्राउंडचेर वर्सुकी एनसीसी पीएम रॅलीत उलोवप करतले. अंदूच्या रॅलीचो विशय आसा "राष्ट्र प्रथम - कार्तव्य निष्ठ युवा". ही रॅली भारताच्या तरणाट्यां मदली कर्तव्यभावना, शिस्त आणि राष्ट्रीय बांधिलकीची भावना प्रतिबिंबित करता अशे प्रधानमंत्री कार्यालयान एका निवेदनात म्हळां. म्हयनोभर चलील्ल्या NCC प्रजासत्ताक दिस शिबिर-2026 चो भव्य समारोप ह्या एनसीसी पीएम रॅलीन जातलो. तातूंत देशभरांतल्या दोन हजार 406 एनसीसी कॅडेटांनी वांटो घेतिल्लो, तातूंत 898 चलयो कॅडेटांचो आस्पाव आशिल्लो.
EU – 190
भारत आनी युरोपीय संघान काल इतिहासीक मुक्त वेपार कबलातीचेर (एफटीए) सयो केलो. नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो कोस्ता आनी युरोपीय आयोगाच्यो अध्यक्ष उर्सुला फॉन डेर लायन हांचे मदीं भारत-यूरोपीय संघ शिखर शिखर परिशदे उपरांत ही कबलात जाल्या. दोनूय वटांनी ह्या कबलातीक "सगल्या वेपार कबलातीची जननी"' अशें म्हळां. ह्या कबलातीक लागून कापड आनी पांयतणां सारक्या भारतीय वस्तूं खातीर युरोपीय बाजारपेठ उक्ती जातली. तेच बरोबर, हाका लागून, लक्झरी मोटारी, वाइन आनी वखदां सयत आयात केलल्या युरोपीय वस्तूं चेर शुल्क उणें जावन त्यो भारतात सवाय जातल्यो. तेभायर भारत आनी युरोपीय संघान सुरक्षा, संरक्षण भागीदारी, मोबिलिटी, आपत्ती धोको वेवस्थापन आनी ग्रीन हायड्रोजन ह्या मळारय जायत्या कबलातीचे आदान-प्रदान केले.
चर्चे उपरांत दोनूय युरोपीय फुडाऱ्यां बरोबर जोड पत्रकार परिशदेंत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, भारत आनी 27 देशांच्या युरोपीय संघ हांचे दीं सगळ्यांत व्हडली मुक्त वेपार कबलातिचेर सयो जाल्ल्यान अर्थीक संबंद खोल

जातले, रोजगाराच्यो संदि निर्माण जातल्यो, संवसारीक पुरवण साखळी घटमूट जातली आनी समृध्द फुडारा खातीर दोनूय वटां मधली भागीदारी घटमूट जातली.
Byte PM blueprint – 24
बदलत्या जागतीक परिस्थितींत भारत आनी युरोपीय संघ धोरणात्मक आणि विश्वासाई भागीदार म्हूण एकठांय उबे आसात असो स्पश्ट संदेश ही शिखर परिशद संवसाराक दिता अशें युरोपीयन काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो कोस्ता हांणी सांगलें.

DIP – 100
बेतूल हांगाच्या इंडियन ऑईल कॉर्पोरेशनच्या वाठारांत काल “भारत ऊर्जा सप्तक” परिशदेक सुरवात जाली. पेट्रोलियम आनी नॅच्युरल गॅस मंत्रालयान ह्या चार दिसांच्या परिशदेचें आयोजन केला. परिशदेत जगभरांतल्यान ऊर्जा क्षेत्रांतले तज्ञ, धोरणकर्ते आनी ऊर्जा क्षेत्रांतले उद्देजक सहभागी जाल्यात. परिशदेंत ऊर्जा विकास, आंतरराष्ट्रीय तेल, अर्थिक सुरक्षा, शाश्वत ऊर्जावाड आदी विशयांचेर चर्चा जातली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी व्हिडियो संदेशा वरवीं परिशदेच्या उक्तावण कार्यक्रमात संबोधन केले. Byte energy week – ३०
Vaishnaw – 55
इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां की भारत 2035 मेरेन संवसारांतल्या पयल्या चार सेमीकंडक्टर उत्पादक देशां मदीं आसपाचे वाटेर आसा.नवी दिल्लींतल्या स्टार्टअप आनी अर्दवायू उद्देगाच्या प्रतिनिधीं कडेन उलयतना तांणी सांगलें की भारताची सेमीकंडक्टर कार्यावळ दीर्घकाळ आनी बऱ्या नियोजीत उपक्रम म्हणून तयार केल्लो आसा, तातूंत स्टार्टअप आनी स्थापन जाल्लीं कंपनीं दोनूय आसात.
SC – 70
सर्वोच्च न्यायालयान काल सगळ्या राज्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांक ॲसिड हल्ल्याच्या प्रकरणांचो आकडो आनी न्यायालयांत तांची स्थिती सयत वेगवेगळी म्हायती दिवपाक सांगलां. तशेंच पीडितांक मजत करपा खातीर पुनर्वसन उपायांची म्हायती दिवपाचे निर्देश न्यायालयान दिल्यात. मुखेल न्यायाधीश सूर्य कांत आनी न्यायाधीश आर.महादेवन आनी जॉयमाल्या बागची हांच्या खंडपिठान राज्यांक आनी केंद्रशासित प्रदेशांक सकयल्या न्यायालयांत आरोपपत्र दाखल केल्ल्या

प्रकरणांच्या आकड्याची म्हायती दिवपाक सांगलां. खंडपिठान ही म्हायती दिवपाक चार सप्तकांचो वेळ दिला.

Wings – 60

आशियांतली सगळ्यांत व्हडली नागरी विमानन कार्यावळ विंग्स इंडिया 2026 आयज हैदराबादच्या बेगुम्पेट विमानतळार सुरू जातली. चार दिसांची हि कार्यावळ नागरी विमानन मंत्रालय आनी फिक्की च्या जोड पालवान घडोवन हाडटा. विंग्स इंडिया जागतीक विमानन फुडारी, धोरणकर्ते आनी उद्देगीक भागधारकांक एकठांय हाडटले आनी विमानन क्षेत्रांत भारताची वाडती तांक, नवनिर्माण आनी क्षमता दाखोवपा खातीर एक मुखेल मंच म्हणून काम करतले.

Data Privacy – 70

आज आंतरराष्ट्रीय डेटा गोपनीयता दीस मनयतात. डिजिटल युगांत वैयक्तीक म्हायती आनी गोपनीयतेचे संरक्षण कितलें महत्वाचे आसा हाचे विशीं जागृताय करप हो ह्या दिसाचो हेत आसा. हाका डेटा संरक्षण दीस अशेंय म्हण्टात, 2006 वर्सा युरोप काउन्सिलान हो दिस थारायल्लो. डेटा संरक्षणाचेर संवसारांतलो पयलो कायदेशीर रितीन बंधनकारक आंतरराष्ट्रीय कबलात आशिल्ल्या 'कन्व्हेंशन 108'चेर स्वाक्षरी केल्ल्याचो उगडास करपा खातीर हो दीस मनयतात. डेटा गोपनीयता ही जबाबदार डिजिटल प्रशासनाची एक मूलभूत आधारस्तंभ आसा.

IMD – 40

भारतीय हवामान खात्यान आयएमडीन आज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश आनी पंजाबात फुडलें दोन तीन दिस कुडकुडयाचे शि पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान दिल्ली, बिहार, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, मध्य प्रदेश, पंजाब, राजस्थान आनी उत्तर प्रदेशात फाल्या मेरेन दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला.

Cricket U -19 – 80

दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या क्रिकेट विश्वचषकांत काल बुलावायोच्या क्वीन्स स्पोर्ट्स क्लबांत जाल्ले सुपर स स्टेज मॅचींत भारतान झिंबाब्वेक 204 धांवड्यांनी हारयलो. भारतान दिल्ल्या 353 धांवड्याच्या लक्ष्याक जाप दितना झिंबाब्वे 38 व्या ओव्हरींत 148 धांवड्यो करून ऑल आउट जालो. भारता खातीर उधव मोहन आनी आयुष महात्रे हांणी दरेकीं तीन विकेटी घेतल्यो.

हाचे आदीं भारतान निर्धारित 50 ओव्हरींनी 8 बाद 352 धांवड्यो केल्ल्यो. विहान मल्होत्रान नाबाद 109 धांवड्यो काडल्यो. ताका प्लेअर ऑफ थे match पुरस्कार फावो जालो.

भारताची फुडली मॅच 1 फेब्रुवारीक पाकिस्ताना आड जातली.